# 18 आनी 19 एप्रिलाक सागर कवच मोहिम

ता.16 एप्रिल 2018
26 चैत्र 1940

सागरी सुरक्षा मोहिमेचो भाग म्हुण ता. 18 आनी 19 एप्रिलाक गोंयात सागर कवच मोहिम जातली. सागरी वाठारातल्या सुरक्षीततायेच्या उद्देशान अशी मोहिम राबयतात. मुख्य सचिवाच्या देखरेखीखाला जावपी ह्या मोहिमेत भारतीय तट रक्षक दळ, नौदळ, गोंय पुलीस, सागरी सुरक्षा यंत्रणा, एमपीटी, बंदर प्रशासन, सीआयएसएफ, कस्टम आनी दृश्टी जीवरक्षक सेवेचे जीवरक्षक सहभागी जातले.